# आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात गोंयचे दालन

ता. 8 नोव्हेंबर 2019

नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर 14 ते 27 नोव्हेंबर 2019 मेरेन आयोजीत केल्ल्या 39 व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात गोंय राज्य सहभागी जातले. प्रगती मैदाना वयल्या 12अ-05-ब ह्या जागेत गोंयचे दालन आसतले आनी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं दालनाचे उकतावण जातले.

प्रत्येक वर्सा गोंय राज्य ह्या मेळाव्यात वाटो घेता आनी त्या खातीर म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते नोडल एजन्सी आसा. उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य, पर्यटन खाते, हस्तकला, टॅक्सटायल आनी कॉयर, पर्यटन विकास, उद्देगिक विकास, ग्रामीण लघू उद्देग महामंडळ आनी गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळ ह्या मेळाव्यात सहभागी जातले. "वेवसाय करपाक सोपेपणा" अशी ह्या वर्साच्या मेळाव्याची संकल्पना आसा.

ह्या मेळाव्यात गोंयांत गुंतवणूकी खातीर उपलब्ध आशिल्ल्यो साधनसुविधां, पर्यटन, गोंयची खाणां-जेवणां, सरबराय, कला- संस्कृती आनी हेर सुविधांचेर प्रदर्शन मांडटात.

गोंयच्या दालनात गोंयच्या कलाकारां वतीन लोककला सादरीकरणाचे कार्यक्रम जातले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/787

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA

-

-